**भलायकी विमा येवजणांच्या जागृताय वाहनांक बावटो दाखोवन सुरवात**

ता. 4 नोव्हेंबर 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी सचिवालयांत केंद्र सरकारान अंमलबजावणी केल्ल्या प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा योजना आनी प्रधानमंत्री जीवन ज्योती योजना ह्या भलायकी विमा येवजणाविशीं जायरातीच्या माध्यमातल्यान लोकांमदी संदेश पावोवप आनी जागृताय करपाच्या दोन वाहनांक बोवटो दाखोवन जागृताय कार्यक्रमाचो शुभारंभ केलो.

गोंय सरकारान गोवा सीएसआर ऑथोरिटी आनी भारत सीएसआर नेटवर्क हांच्या जोड पालवान प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा योजना आनी प्रधानमंत्री जीवन ज्योती योजना ह्या म्हत्वकांक्षी येवजणाविशीं जागृताय करपाचो उपक्रम सुरू केला.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान राज्यांतल्या नागरिकांक उत्कृश्ट भलायकी सुविधां दिवपा खातीर सरकार कटीबद्ध आसून त्या दिश्टीन प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा योजना आनी प्रधानमंत्री जीवन ज्योती योजना ह्या सारख्या येवजणो सुरू केल्ल्याचें सांगलें.

ह्या विमा येवजणां खाला मरण येवपी मनशाच्या कुटुंबाक 2 लाख जाल्यार अपंगत्व येवपी मनशाक 1 लाख विमा सुरक्षा रक्कम दिवपाची तजवीज आसून वर्साक 20 रूपयांचो हप्तो भरचो पडटा. जाल्यार दुसऱ्यार येवजणेत लावधारकांक वर्साक 436 रूपया फारीक करचे पडटा आनी कसल्याय कारणाक लागून मरण आयल्यार 2 लाख रूपया दितात. ह्या येवजणाविशीं लोकांमदी जागृताय जावन लोकांक तांचो फायदो घेवपाक मेळचो म्हूण वाहनांच्या माध्यमातल्यान जागृताय करपात येता, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान लोकांनी ह्या येवजणांचो लाव घेवपाचो उलो मारलो.

नियोजन आनी सांख्यिकी खात्याचे संचालक विजय व्ही. सक्सेना हांणी ह्या येवजणांची म्हायती दितना ह्यो येवजणो सामान्य लोकांच्या हिताखातीर सुरू केल्ल्यो आसून त्यो लोकांक फायदेशीर आनी परवडपी आशिल्ल्याचें सांगलें.

गोवा सीएसआर चे अधिकारी श्री. गणराज मोरजकर, भारत सीएसआर चे संस्थापक अध्यक्ष साजीद सय्यद, आरआयओ फांवडेशनचे संस्थापक शाहाबुद्दीन काणीकर, उपसंचालक कैलास गोखले आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/605

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.